राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो  २१.०६.२०२६ @ ७२० pm

विकसित भरत रोजगार  आनी उपजिविका हमी अभियान येवजण विकसित भारत २०४७ करतनाच  विकसित आनी स्वंयपुर्ण गोंय २०३७ करपाक व्हड महत्वाची थारतली अशे मत ग्रामीण उदरगत खात्याचे सचिव अर्जन मोहन हांणी व्यक्त केला.

भारत देशाक गिरेस्त संस्कृताय आसा,ती जपप आनी तिगोवन दवरप महत्वाचे जाका आपल्या संस्कृतायेचो विसर पडटा ताका भवितव्य ना अशे मत कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी व्यक्त केले

शार उदरगत खात्यान 2026 वर्सा नागरी संस्थेक जावपी सार्वत्रिक वेंचणुकेचे तयारेचो एक भाग म्हूण पणजी शार म्हामंडळा खातीर 30 वॉर्डांचो फेररचणुक मसुदो उजवाडायला

७९ व्या राष्ट्रीय फुटबॉल अजिंक्यपद स्पर्धेक आज आसामात सुरुवात जाली.

रश्मी 360

विकसित भरत रोजगार  आनी उपजिविका हमी अभियान येवजण विकसित भारत २०४७ करतनाच  विकसित आनी स्वंयपुर्ण गोंय २०३७ करपाक व्हड महत्वाची थारतली अशे मत ग्रामीण उदरगत खात्याचे सचिव अर्जन मोहन हांणी व्यक्त केला. मनरेगा येवजणेत कांय  बदल आनी सुटसुटीतपणा तशेच तंत्रिक आदार घेवन ही येवजण आता १२५ दिसाची रोजगाराची हमी, तंत्रगिन्यानाच्या मजतीन कामाचें मुल्याकंन आनी मोनिटरींग,तशेंच गरजवंताक  उपजिविका आनी अर्थिक रित्या सक्षम करपाक मोलादिक थारतली अशे तांणी म्हणला. उदकाची सुरक्षितताय ताची साठवणुक,तशेंच  वेगवेगळ्यो भौशिक  मुळाव्या पांवडयावेली बांधकामा, वातवरणात जावपी बदलाच्या फांटभुयेर  वेगेवगळे उपक्रम राबवक, तशेच  पिकावळ आनी उत्पादनाक मार्केट मेळोवन दिवपाच्य हेतान  ही येवजण

खरी दुवा थारतली असो विस्वास तांणी व्यक्त केला. गोंय पत्र सूचना कार्यालयावतीन आयज विकसित भारत  रोजगार हमी आनी आजिवन मिशन येवजणेची म्हायती दिवपाखातीर दिसांळी तशेच प्रसार माध्यमाखातीर खासा  वार्तालाप कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. ह्यावेळार अर्जुन मोहन उक्तावण सुवाळ्या उपरांत उलयताले.

गावगिऱ्या पावंड्याचेर ही येवजण कशा पद्दतीन चालीक  लायतले ताची म्हायती  ह्यावेळार गोंय पंचायत  संचालनालयाचे उप -संचालक  प्रसिद नायक हांणी दिली. ही येवजण खरया अर्थान उदरगतीच्य बाबतीन turning point थारतली अशे तांणी म्हणला. Soak pit, septic tank, grey water management तशेंच कोयराचो विल्हो लावपाच्य कामात  ह्या येवजणेवरवी खुपश्या जणांक रोजगाराच्यो संध मेलटल्यो अशे तांणी म्हळा. गोंयातं सद्या दिसवड्याक  ३७८ इतको दिसवडो  दितता, जाल्यार कोयराचो विल्हो लावपाचे काम करपी जोब कार्ड होल्डरांक  ७००-८०० रुपया प्रति दिसवडो दितात अशी म्हायती प्रसिद नायक हांणी दिला.

शिरोडा पंचायतीची सरंपच मुग्धा शिरोडकार हाणी  ह्या येवजणेवरवी  बंधारे, पाट, सौरउर्जा निर्मिती, पवन उर्जा निर्मितीच्या माध्यमातल्यान रोजगार दिवपाक मेळटा अशे म्हणला. शिरोडा पंचायतीन ह्या येवजणेचो उपेग करुन काजीची झाडा रोवप, कुळागरांनी उदकाच्या साठवणुकी खातीर खड्डे मारप, गांडुळ खत तयार करप,  पावसाचे, ह्वाराचे, तशेच खारे उदक शेतांनी वच्चे न्ही म्हण साधन  सुविदा उबारपाक लागपी कामांखातीर  ह्या येवजणेवरवी कामा दिल्याची म्हायती  दिली.

एड. अक्षता पुराणिक भट हांणी ह्यावेळार  ह्या येवजणेवरवी सुरु केल्य कामात जर  कळाव जायत, वा कामाचो पगार दिवपाक , वा कामाच्या हिशोबात  गडबड  वा भ्रष्टाचार जायत जाल्यार तांचेर कशा पद्दतीन कायदेशीर कारवाय जातली. कायद्याच्या चौकटीत रावुन ही येवजण केंद्र सराकरान कशा पद्दतीन तयार केला ताची सविस्तर  म्हायती दिली.  ह्यावेळार  गोंय पत्र सूचना कार्यालयाचे संचालक  नाना मेशराम हांणी सुरवेक सगळ्याक येवकार दिलो,

जाल्यार सीबीसी. गोवाचे  म्हायती धिकारी रियास बाबु हांणी पत्र सुचना वेव्हकार कार्यालयाच्य कामाची म्हायती दिली. तशेचं  पी.आय.बीचे माध्यम संपर्क अधिकारी अबांदास यादव हांणी उपकार मानले.

रश्मी 80

भारत देशाक गिरेस्त संस्कृताय आसा,ती जपप आनी तिगोवन दवरप महत्वाचे जाका आपल्या संस्कृतायेचो विसर पडटा ताका भवितव्य ना अशे मत कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी व्यक्त केले,हांच्या हस्तुकी काल 25 व्या लोकोत्सवाचे पणजे कला अकादमीच्या दर्या संगम वाठारात उक्तावण जाले. लोकोत्सव 29 जानेवारी मेरेन लोकां खातीर उक्तो आसतलो.दर वर्साप्रमाण अंदु लेगीत देशभरातले हस्तकला,लोककला ह्या लोकोत्सवावरवी अणभवपाक मेळटलो.ह्या उक्तावण सुवाळ्याक नामनेचे लेखक आनी लोककथाकार, पद्‌मश्री विनायक खेडेकर, कला आनी संस्कृती  संचालक विवेक नायक, खेळां आनी युवा वेव्हार संचालक,डॉ. अजय गावडे तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

रश्मी 100

शार उदरगत खात्यान 2026 वर्सा नागरी संस्थेक जावपी सार्वत्रिक वेंचणुकेचे तयारेचो एक भाग म्हूण पणजी शार म्हामंडळा खातीर 30 वॉर्डांचो फेररचणुक मसुदो उजवाडायला.खात्यान जारी केल्ले भौशीक सुचोवणे प्रमाण फुडल्या वेंचणुके खातीर शाराची संख्या आनी शिमो हांचे विशीं तपशील ह्या मसुद्यांत दिल्ले आसात. हो मसुदो 21 जानेवारी ते 29 जानेवारी 2026 मेरेन, आयतार आनी भौशीक सुटी सोडून हेर सगळ्या कामाच्या दिसांनी, कार्यालयीन वेळार मामलेदार, तिसवाडीच्या कार्यालयांत तशेंच पणजी म्हापालीका कार्यालयांत भौशीक तपासणे खातीर उक्तो उरतलो. ह्या काळांत नागरिकांक मर्यादेच्या मसुद्या संबंदीत आपल्यो सुचोवण्यो, बदल वा दुरुस्त्यो सादर करपाक मागयल्यात. मामलेदार, तिसवाडी, पणजे

हांगा सुचवण्यो करू येता अशें पणजेच्या शार उदरगत खात्याच्या जारी केल्ले नोटीशीत म्हणलां

Dip 140

कांय थळाव्या दिसाळ्यांनी म्हायती खात्यान चालीक लायिल्लें आरटीआय पोर्टल कार्यरत नाशिल्ल्याचे खात्याक खबर ना अशें मथळ्या खाला खबर उजवाडायल्या. हे संबंदी म्हायतीखात्यान आपल्या खुलाशात rtionline.goa.gov.in पोर्टल योग्य रितीन काम करता आनी हि खबर फटीची आनी चुकीची आसा अशें स्पश्ट केलां. हे पोर्टल राष्ट्रीय माहिती विज्ञान केंद्रावरवि डिझाइन केला. नागरिकांक आरटीआय अर्ज दाखल करपाक, अपील करपाक आनी आरटीआय शुल्क ऑनलायन फारीक करपाक सोंपें जावचें म्हणून हें पोर्टल सुरू केलां. माहिती हक्क कायदो, 2005 च्या उद्दिश्टां प्रमाण भौशीक प्राधिकरणांच्या कार्यावळींत पारदर्शकता आनी जापसालदारकी हाडपाचो हो पोर्टलाचो हेत आसा.हे सुरू जाले उपरांत पोर्टलाचेर 2,634 आरटीआय अर्ज, 424 पयली अपील आनी 34 दुसरे अपील दाखल जाल्यात. खात्याक 20 जानेवारी 2026 मेरेन 170 ऑनलायन आरटीआय अर्ज आनी 20 पयले अपील मेळ्ळ्यात. अशा प्रकारचे स्थानिक दैनिकाचे वृत्त दिशाभूल करपी आणि फटीचे आसा. अर्ज दाखल करताना समस्या आयल्यार तांणी गरजेच्या मजती खातीर खात्या कडेन संपर्क करूं येता वा मार्गदर्शना खातीर हेल्पलायनीचेर वा ईमेल करूं येता.

DIP 60

देशाच्या हेर वाठारांप्रमाण गोंय राज्यांतय 26 जानेवारी क प्रजासत्ताक दीस मनयतले. राज्य पांवड्यावयलो प्रजासत्ताक दीस सुवाळो सकाळी 8.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर जातलो. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दितले आनी उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.सुवाळ्याच्या थळार राज्यपालांक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक, गोंय विभागाचे ध्वजाधिकारी येवकार दितले.

वंदे मातरम 50

पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्रालयान आज राष्ट्रीय गीताच्या १५० व्या वर्षाच्या स्मरणोत्सवाच्या दुसऱ्या टप्प्याचो भाग म्हणून वंदे मातरमचे सामूहिक गायन आयोजित केले. मंत्रालया म्हणला की या मेळाव्यात सहभागींनी पिळग्यांक प्रेरणा दिवपी कालातीत श्लोकांबद्दल सामायिक आदर व्यक्त केलो. हो कार्यक्रम वंदे मातरमची १५० वर्षे मनोवपाक आयोजित केल्या व्यापक देशव्यापी स्मारक कार्यक्रमाचो एक भाग आसा.

Dip 45

गृह खातें 25 जानेवारीक सकाळीं 11.30 वरांचेर सत्तरीच्या नाणूस किल्ल्यांर राणे बंडखोरीचो उगडास करपा खातीर भव्य सुवाळो घडोवन हाडटले. परये मतदारसंघांची आमदार डॉ. देविया राणे बंडाच्या स्मारकार पुष्पचक्र ओपतली आणि हेर मानेस्त स्मारकाचेर गुलाबाच्या  पाकळ्यांनी आर्गा ओपतले.पुलिसांचो मानवंदना पंगड सलामी दितलो आनी पुलीस बँड 'लास्ट पोस्ट' वाजयतले .

विमान 60

प्रयागराज लगीच्या एअरफोर्स स्टेशन बामरौली हांगा नियमित उड्डाण घेत असताना, वायुसेनेचे एक मायक्रोलाईट विमान एका निर्जन भागात सुरक्षितपणान देवयले . ही घडणुक केपी कॉलेजच्या फाटी आशिल्या तळ्यात घडली. तळ्यातल्या उदकाक लागुन आणि अपघाता आदी दोनुय वैमानिक भायर सरुन त्यांच्या उघड्या पॅराशूट सयत तळ्यात देवील्यान विमानाक उजो लागलो ना नागरिकांच्या जीविताचे वा मालमत्तेचे कसलेच नुकसान जावुक ना आणि विमानाचे दोनय वैमानिक सुरक्षित आसात.

ज्ञानेश 50

बूथ लेव्हल अधिकारी हे देशातल्या वेचणूक लोकशायीचो मुळावो आधारस्तंभ आसात अशे मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार यांनी म्हळां.आज नवी दिल्लीत इंडिया इंटरनॅशनल कॉन्फरन्स ऑन डेमोक्रसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट (IICDEM) २०२६ त ते उलयताले..भारत लोकशायीची जननी आसा आणि प्रत्येक पात्र मतदाराचो समावेश आसलेली शुद्ध मतदार वळेरी राखप, लोकशायीच्या बळकटीकरणा खातीर आवश्यक आसा अशे ताणी सांगले

सुकन्या 90

सुकन्या समृद्धी योजनेअंतर्गत चार कोटी ५३ लाखां परस चड बँक खाती उघडल्यात जातुन एकूण तीन लाख ३३ हजार कोटी रुपयांपरस चड  ठेवी आसात अशे सरकारने म्हणला. बेटी बचाओ, बेटी पढाओ मोहिमेअंतर्गत चलयांक वाटावपाक सरकारच्या फुडाकारान जानेवारी २०१५ त ही योजना सुरू केली . ही एक लहान बचत योजना आसा आणि सध्या या योजने अंतर्गत व्याजदर ८.२ टक्के आसा. चलयेच्या जन्मापासून ती धा वर्षांची जाय मेरेन केन्नाय हे खाते उघडु येता. सुकन्या समृद्धी योजना लाखांनी तरण्या चलयांक आशा आणि सक्षमीकरणाचे एक शक्तिशाली प्रतीक जाला    जी त्यांच्या स्वप्नांचे पालनपोषण आणि त्यांचे भविष्य सुरक्षित करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेचे प्रतिबिंब आसा

फुटबॉल 50

७९ व्या राष्ट्रीय फुटबॉल अजिंक्यपद स्पर्धेक आज आसामात सुरुवात जाली. अ गटातल्या खेळात राजस्थान एफसीन उत्तराखंडाचो ३-२ असो पराभव केलो. हो खेळ आसामातल्या धाकुआखाना फुटबॉल स्टेडियमार   जालो.

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३०.३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **1९.2** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले